Akashwani Panaji 27th May 2026 National news 8.40 am

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-कॅनडा अर्थीक भागीदारीचो फुडलो अध्याय विस्वासांतल्यान चलतलो आनी दोनूय राश्ट्रांची समृध्दी जातली असो विस्वास उक्तायला.

* विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर काल नवी दिल्लीत ऑस्ट्रेलियेच्यो विदेश व्यवहार मंत्री पेनी वॉग हांचे वांगडा सतराव्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांच्या द्विपक्षीय संवादाचे सह-अध्यक्षपण साम्बाल्ले.

* घुसखोरी आनी हेर कारणांक लागून लोकसंख्येंतल्या बदलाच्या आव्हानांक फुडो करपाखातीर केंद्रान उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन केल्या.

* भारत आनी रोमानिया हांचे कडेन काल नवी दिल्लींत संरक्षण सहकार्याचे संयुक्त समितीची दुसरी बसका जावन द्विपक्षीय संरक्षण संबंद घटमूट केल्यात.

**डॉ. एस. जयशंकर 80**

भारत आणि अमेरिकेन मोलादीक खनिजां आणि दुर्मिळ मूलद्रव्यांचो पुरवठो , खणकाम आणि प्रक्रिया सुरक्षित करपाच्या हेतान एका महत्त्वाच्या द्विपक्षीय कबलातीचेर सयो केल्यो. दिल्लीत विदेश वेवार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आणि अमेरिकेचे विदेश वेवार सचिव मार्को रुबियो हानचामधी या ऐतिहासिक कबलातीची देवाणघेवाण झाली., हो आराखडो लवचिक आणि वेगवेगल्या प्रकारच्या पुरवठो साखळ्यांक घठमुठ करतलो अशे विदेश वेवार मंत्रांनी सांगला.; तसेच दोनुय देशांक वित्तपुरवठ्याच्या बाबतीत सहकार्य करपाक आणि महत्त्वपूर्ण खनिजा आनी दुर्मिळ मूलद्रव्यांचे प्रभावी व्यवस्थापन करपाक मजत जातली .अशे तानी मुखार सांगला.

Goyal

भारत-कॅनडा अर्थीक भागीदारीचो फुडलो अध्याय विस्वासांतल्यान चलतलो आनी ताका लागून दोनूय राश्ट्रांची उदर्गत जातली असो विस्वास केंद्रीय वाणिज्य आनी

उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी उक्तायला. काल रातीं कॅनडाच्या टोरोंटो शारांत 'From Political Reset to Commercial Delivery' ह्या उक्तावण मंत्रिमंडळ अधिवेशनांत उलोवप करतना तांणी दोनूय वटांनी व्यापक अर्थीक भागीदारी करार (सीईपीए) खातीर यत्न केल्ल्यान राश्ट्रां मदलो विस्वास नव्या वेपार आनी गुंतवणूकेक संधी दिता अशे सांगलें . वेपार आनी गुंतवणूक संबंद वाडोवपाक सीईपीए मुखेल खांब म्हूण काम करता हाचेर तांणी भर दिलो . विविधताय ही भारत आनी कॅनडा हांचे मदल्या संबंदांची व्याख्या करता अशेंय तांणी सांगलें. भारतीय अर्थवेवस्थेंतल्या गतीशीलतेचेर भर दितना मंत्री गोयाल हानी , फुडले तीन दशक भारत संवसारांतली सगळ्यांत नेटान वाडपी व्हड अर्थवेवस्था तिगुन उरतली अशे मुखार सांगले .

Jaishankar

काल सांजवेळा नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी ऑस्ट्रेलियेच्यो विदेश व्यवहार मंत्री पेनी वॉग हांचे वांगडा सतराव्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांच्या द्विपक्षीय संवादाचे सह-अध्यक्षपण साम्बाल्ले. भारत-पॅसिफिक, अस्तंत आशियांतली परिस्थिती, आनी हेर प्रादेशिक, जागतीक आनी बहुपक्षीय प्रस्नांचेर तांणी विचारांचो आदान-प्रदान केलो अशें dr जयशंकर हांणी सांगलें. तशेंच दोनूय राश्ट्रां मदल्या व्यापक रणनिती भागीदारीच्या स्थिर प्रगतीचोय तांणी नियाळ घेतलो. अणुऊर्जा तयार करपा खातीर युरेनियम पुरवण सयत उर्जा क्षेत्रांत सहकार वाडत आसा अशें dr जयशंकर हांणी सांगलें.

Shah

घुसखोरी आनी हेर कारणांक लागून लोकसंख्येंतल्या बदलाच्या आव्हानांक फुडो करपाखातीर केंद्रान उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी हे समितीचे अध्यक्षपद सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश न्यायाधीश प्रकाश प्रभाकर नाओलेकर करतले अशें सांगलां. जनगणना आयुक्ता वांगडा आदलो आयएएस अधिकारी दुर्गाशंकर मिश्रा, आदलो आयपीएस अधिकारी बालाजी श्रीवास्तव आनी अर्थशास्त्रज्ञ शमिका रवी हांचे वांगडा समितीचे वांगडी म्हणून नेमणूक केल्या. गृह मंत्रालयांतलो संयुक्त

सचीव  समितींत वांगडी सचीव म्हणून काम करतलो.मंत्री शाह हानी घुसखोरी आनी हेर कारणांक लागून  लोकसंख्येंत बदल जावपाक लागल्यात जें खंयच्याय राश्ट्राच्या वर्तमान आनी फुडाराक खूब म्हत्वाचें आव्हान आसा अशे ताणी सांगले

76 romania

भारत आनी रोमानिया हांचे कडेन काल नवी दिल्लींत संरक्षण सहकार्याचे संयुक्त समितीची दुसरी बसका जावन द्विपक्षीय संरक्षण संबंद  घटमूट केल्यात. हे बसकेंत संरक्षण सहकार्याचो नियाळ घेतलो आनी मुखेल वाठारांनी सहकार्याचो विस्तार करपाचे मार्गांचेर चर्चा जाली. सायबर संरक्षण, लश्करी वैजकी सहकार, संयुक्त प्रशिक्षण, क्षमता निर्माण आनी संरक्षण उद्देगीक सहकार्याचो आस्पाव आशिल्ली द्विपक्षीय संरक्षण सहकार येवजण दोनूय वटांनी निमाणी केली. संरक्षण मंत्रालयांतले संयुक्त सचीव आनी रोमानियेच्या संरक्षण धोरण, नियोजन आनी आंतरराष्ट्रीय संबंद खात्यांतले उपमुखेल्यानी  हे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे.

**'अपनापन**

नवी दिल्लीत आदले  उपराष्ट्रपती एम. व्यंकय्या नायडू आणि आदले प्रधानमंत्री एच. डी. देवेगौडा हांचा हस्तुकी    'अपनापन: नरेंद्र मोदी के संग मेरे अनुभव' ह्या या पुस्तकाचे प्रकाशन जाले. हे पुस्तक केंद्रीय कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी बरायला. .ह्या वेळार उलयताना  श्री. नायडू हाणी सांगला कि  दर ऐकल्यान खास करून  राजकारणात नव्याने येवपी लोकांनी –हे पुस्तक वाचुंक जाय .  **तशेच ह्या वेळार उलयताना  मंत्री शिवराज singh चौहान हाणी म्हणले कि**

Ajay

नवी दिल्लींत अनुसुचीत जाती कल्याण येवजण्यांची  अंमलबजावणी  करपा खातीर समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री dr वीरेंद्र कुमार हांणी  पीएम-अजय पोर्टल आनी अजय मोबायल ॲप सुरू केलो. कागदाचेर आदारिल्ल्या कार्यप्रवाहांतल्यान आनी प्रक्रियांतल्यान पुरायपणान डिजिटल कार्यप्रवाह  कडेन संक्रमण करपाचो हेतू आशिल्ल्या प्रधानमंत्री अनुसुचित जाती अभ्युदय येवजणेची अंमलबजावणी  सुनिश्चीत करता  अशें समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान सांगलें. सर्वेक्षण आनी शेतकी पांवड्यार गांव उदरगत येवजण्यो तयार

करून कागदाचेर आदारीत कार्यप्रवाहांतल्यान डिजिटल पांवड्यार  संक्रमण करपा खातीर पीएम अजाय मोबायल ॲप एक एकत्रीत डिजिटल प्लॅटफॉर्म म्हणून तयार केला.

Yadav

पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी गिमाच्या हंगामा पयलीं दिल्लींत प्रदुशणाचो पान्व्डो उनो करपा खातीर  समन्वय आनी खर अंमलबजावणी करपाचा गरजेचेर  भर दिला. मंत्र्यांनी  काल दिल्लीच्यो  मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांचे कडेन नियाळ बसका घेवन राष्ट्रीय राजधानींत हवेचो दर्जो सुदारपा खातीर घेतिल्ल्या उपायांची प्रगतीचे  मुल्यांकन केलें. रस्त्याच्या धुल्ल नियंत्रणा संबंदीत कामां वेगान करपाची गरज आसा अशें सांगून मंत्रीमंडळान दिल्ली सरकाराक रस्तो पुनर्विकासाचे सगळे प्रकल्प अंदूं ऑक्टोबर मेरेन पुराय करपाक सांगलें. भौशीक येरादारी आनी इलेक्ट्रीक मोबिलिटी विशीं मंत्र्यांनी दिल्लीभर ईव्ही चार्जिंग मुळावी बांदावळ वाडोवपाच्या  गरजेचेर  भर दिलो. तशेंच मेट्रो नेटवर्क घटमूट करप आनी जोडणी सुदारपाचेर भर दिलो.  उल्लंघन करप्यां आड खर कारवाय करतले अशी शीतकावणी तांणी दिल्या आनी शारभरांत देखरेख, पार्किंग मुळावी बांदावळ आनी बांदकाम कोयर प्रक्रिया सुविधा घटमूट करपाचो उलो अधिकार्यांक मारला.

**कळवणी**

आकाशवाणी पणजी  केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां  विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर  पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21 ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक  1 जून 2026 आसा.

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान आयज दिल्लीच्या कांय वाठारांनी उश्णतायेच्या ल्हारांचो  अदमास उक्तायला आनी येल्लोव अलर्ट  जारी केला. तशेंच हरियाणा, चंडीगढ, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भाच्या काय सुवातींनी खर उश्णतायेचि  ल्हारां पातळपाची शक्यताय आसा .

Sports20

ipl क्रिकेट सर्तींत आयज सनरायझर्स हैदराबाद आनी राजस्थान रॉयल्स ह्या पंगडा मदीं मोहालीच्या न्यू चंडीगढांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच जातली .

परतून एक फावत आय्चो मुखेल खबरो

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-कॅनडा अर्थीक भागीदारीचो फुडलो अध्याय विस्वासांतल्यान चलतलो आनी दोनूय राश्ट्रांची समृध्दी जातली असो विस्वास उक्तायला.

* विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर काल नवी दिल्लीत ऑस्ट्रेलियेच्यो विदेश व्यवहार मंत्री पेनी वॉग हांचे वांगडा सतराव्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांच्या द्विपक्षीय संवादाचे सह-अध्यक्षपण साम्बाल्ले.

* घुसखोरी आनी हेर कारणांक लागून लोकसंख्येंतल्या बदलाच्या आव्हानांक फुडो करपाखातीर केंद्रान उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन केल्या.

* भारत आनी रोमानिया हांचे कडेन काल नवी दिल्लींत संरक्षण सहकार्याचे संयुक्त समितीची दुसरी बसका जावन द्विपक्षीय संरक्षण संबंद घटमूट केल्यात.

-------------